Panaji regional news

19.05.2025...7.20pm

पावसाळो सुरू जावपाच्या फाटभुयेर  मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सांवत हांच्या अध्यक्षते खाला आयज  वेगवेगळ्या खात्यांच्या अधिकाऱ्यावांगडा बसका जाली.

सुर्यघर मुफ्त बीजली येवजणेची म्हायती दिवपाक  गेडा वतीन गोंयच्या वेगेवगळ्या मतदारंसघानी खासा शिबीरां सरकार आयोजित करतले अशी म्हायतीमुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या

म्हजी बस येवजणेवरवी गोंय कदंबा म्हामंडळ खासगी बसींक कदंबा म्हमंडळाअंर्तगत घेतले.

भारताचे उपराष्ट्रपती जगदीप धनखर 20 ते 22 मे 2025 मेरेन तीन दिसांची गोंय भेटीर आसतले.

हवामान खात्यान आयज सावन फुडले ३ दीस राज्यांत वादळी वार्यासयत पावस पडपाची शक्यताय उक्तायल्या

रश्मि ११५

पावसाळो सुरू जावपाच्या फाटभुयेर मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सांवत हांच्या अध्यक्षते खाला आयज पर्वरे मंत्रालयात आपत्ती वेवस्थापन यंत्रणा, महसुल खाते, भौशिक बांधकाम खाते, उदकास्त्रोत खाते, वीज, भलयाकी खाते तशेंच उजो पालोवपा दलाच्या अधिकाऱ्यावांगडा बसका जाली. ह्यावेळार महसुल मंत्री बाबुश मोन्सेरात, मुखेल सचीव वी. केन्डावेलु तशेंच वेगेवगळे खाते मुखेलि आनी अधिकारी हाजीर आशिल्ले. पावसा आदिचि कामां करपा खातीर पंचायतीक 35,000 रुपया, बीश्रेणीच्या नगरपालिकांक 60,000 रुपया आनी अ वर्ग नगरपालिका दरेकीं 1,10,000 रुपया अर्थीक वितरणाक ह्या बसकेत मंजुरी दिल्या.तशेच धोकादायक वणटी वा बांधकाम भैशिक बांधकाम खात्यान मोडची हुंवाराचे प्रस्न सुटावो करपा खातीर उदकास्त्रोत खात्यान न्हंयांतलो गाळ

बेगोबेग काडचो, पावसाच्या काळात जिल्होधिकाऱ्याच्या कार्यालयातल्या आपत्ती वेवस्थापन यंत्रणेचो नियाळ घेवचो, तशेंच पावसाच्या काळांत समर्पीत नोडल अधिकारी नेमपाचो निर्देश मुखेलमंत्र्यान ह्यावेळार संबंधित अधिकाऱ्यांक दिला.

१५० रश्मि

goa energy development corporation (GEDA) वतीन आयज मंत्री, आमदार , तशेचं जिल्हो पंचायत वांगड्या खातीर पी. एम सुर्यघर मुफ्त बीजली येवजणेची म्हायती दिवपाक खासा कार्यावळीचे पणजेत आयोजन केल्ले. फुडल्या कांय दिसानी गेडा वतीन गोंयच्या वेगेवगळ्या मतदारंसघानी ह्या येवजणेचो लाव लाभार्त्यांकं मेळोवन दिवपाखातीर खासा शिबीरां सरकार आयोजित करतले अशी म्हायती ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. गोंयात सध्या 500 जाण प्रधानमंत्री सुर्यघर येवजणेचो लाव घेतात. गोंयात 365 दिसातले 280 दिस वत आसता , ताका लागुन सौरउर्जेचो उपेग करपा खातीर गोंय राज्यात पोशक वातावरण उपलब्ध आसा अशें मुखेलमंत्र्यान म्हळा. शाळा, तशेचं घरगुती उपेगाखातीर ह्या येवजणेवरवी सोलर पॅनला घालपाक जावपी 50 टक्के खर्च सवलतीच्या केंद्र सरकार दिता, जाल्यार वेवसायिक उद्देगका 20 टक्के सवलत दिता. सौरउर्जचो उपेग ही काळाची गरज, हातुल्यान र्यावरणपुरक उर्जा निर्मिती जाता, तशेचं सच्या वापराक लागपी उर्जा मेळटा. ताका लागुन पी. एम सुर्यघर मुफ्त बिजली येवजणेचो चडान चड लाव गोंयकारामेरेन पावयात अशे आवाहन ह्यावेळार केंद्रिय उर्जा राज्य मंत्री श्रीपाद नायक हांणी ह्यावेळार केला.

१३५ रश्मि

म्हजी बस येवजणेवरवी गोंय कदंबा म्हामंडळ खासगी बसींक कदंबा म्हमंडळाअंर्तगत घेतले. जे खासगी बस ओपरेटर इत्सुक आसा तांका ह्या येवजणेचे अर्ज कदंबा बस स्टेण्डाच्या कार्यालयांनी तशेंच कदंबाच्या डेपोनी उपलब्ध

आसतले अशी म्हायती कदंबा म्हामंडळाचे वेवस्थापकीय संचालक रोहन कासकार हांणी पत्रकार परीशदेत दिल्या. ह्या येवजणेचो लाव घेवपी खासगी बस ओपरेटरांक प्रती किलो मीटर तीन रुपयाची सवलत, तशेचं वर्सुकी विम्याचेर 30 हजाराची अर्थिक मजत दितले. हे शिवाय 15 वर्सा उपरांत स्क्रेपाक काडील्ला 27 वा त्यानपरस चड सीटर आशिल्लया बसींक नवी बस घेवपाक 10 लाख रुपया मेरेन अर्थिक मजत दितले अशी म्हायती कासकार हांणी दिल्या.गोंयची भौशिक येरादारी सेवा सुटसुटीत करपाच्या हेतान सराकरान 15 मे सांवन म्हजी बस येवजण चाली लायल्या . कदंबाच्या बसीचो पास ह्या येवजणेचो ला घेतिल्लया बसीक लागु जातलो. ताका लागुन प्रवास करपी गिऱ्हायकाक लेगीत पास सिस्टमीचो , तशेंच स्मार्ट कार्डाचो बरो फायदो जातलो अशे तांणी म्हणला. byte- rohan kaskar

90 सुशांत

राय पंचायतीचे उपसरपंच गॉडफ्रे ओझवल्ड सौझा हांचे आड दाखल केल्लो अविस्वास थाराव आयज ६ आड ५ मतांनी संमत जालो. रायचे सरपंच मारियो डिसोझा हांणी शेनवारा आपल्या पदाचो राजिनामो दिल्लो. ते उपरांत रोखडोच सोमारा उपसरपंच सौजा हांकां काडून उडयले.

राय पंचायत ही 11 वांगड्यांची पंचायत आसून तातूंतल्या स वांगड्यांनी ह्या थारावाक मान्यताय दिली. तांचेमदी आंतोनियो झेवियर फर्नांडीस, जुडास क्वाद्रूश, पीटर क्वाद्रूश, मान्युएल रॉड्रिगीज, मिंगेलीना डिसोझा आनी क्वीनी डी कोस्ता हांचो आस्पाव आसलो. जाल्यार सरपंच मारियो डिसोझा, जासिंता डायस, सिंथिया फर्नांडीस, ट्रिफियोनो क्वाद्रूश आनी स्वता गॉडफ्रे सौझा हांणी ह्या थारावाच्या आड मतदान केलें.

VP 100

भारताचे उपराष्ट्रपती जगदीप धनखर 20 ते 22 मे 2025 मेरेन तीन दिसांची गोंय भेटीर आसतले. हे भेटी वेळार 21 मे क उपराष्ट्रपती मोर्मुगाव बंदराक भेट दितले, थंय बंदरांतले नवे प्रकल्प राष्ट्राक समर्पित करतले आनी मोर्मुगांव बंदर प्राधिकरणाच्या वरिश्ठ अधिकाऱ्यां कडेन आनी कर्मचाऱ्यां कडेन संवाद सादतले. उपराष्ट्रपती धनखर मोर्मुगांव बंदराचेर कोस्ट गार्डाच्या तारवाच्या भारतीय कोस्ट गार्डाच्या वरिश्ठ अधिकाऱ्यां कडेनय संवाद सादतले. 22 मे कण ते आयसीएआर-सेंट्रल कोस्टल एग्रीकल्चरल रिसर्च इन्स्टिटट्यूट CCARI, कय भेट दितले, थंय ते प्राध्यापक आनी शास्त्रज्ञां कडेन संवाद सादतले.

गोंयच्या भेटी वेळार उपराष्ट्रपती गोंयच्या राजभवनाक भेट दितले, थंय ते आयुर्वेद आनी शस्त्रक्रिया मळार चरक आनी सुश्रुत हाणी केल्ल्या विशिश्ट योगदानाचो उगडास म्हण राजभवन परिसरांतल्या तांच्या पुतळ्यांचे अनावरण करतले

हवामान 100

हवामान खात्यान आयज सावन फुडले ३ दीस राज्यांत वादळी वार्यासयत पावस पडपाची शक्यताय उक्तायल्या.ते प्रमाण फुडल्या तीन दीसांखातीर पावसाचो यलो एलर्ट जालीं केला.1९ तें 23 मे मेरेन हलको पावस पडपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या.कार रातीं सत्तरी सयत हेर कांय वाठारांनी व्हड प्रमाणांत पावस पडलो.हवामान खात्यांत दिल्ल्या म्हायती प्रमाण आयज पणजेंत चडांत चड तापमान ३४.२ अंश सेल्सियस जाल्यार उण्यांत उणे तापमान 27 अंश सेल्सियस इतलें नोंद जाला.जाल्यार मुरगांवात चडांत चड तापमान 33 अंश सेल्सियस आनी उण्यांत उणे तापमान २४.०६ अंश सेल्सियस इतलें नोंद जाला.फुडले स दीस राज्यांत चडांत चड तापमान 34 अशं ते उण्यांत उणे 27 अंश सेल्सियस इतलें उरपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या.

डीआयपि ३०

21 मे क "आतंकवाद विरोधी दीस" पाळतले. आतंकवाद विरोधी दिसा सकाळी 11.00 वरांचेर सचिवालयात आयोजीत कार्यक्रमात भारताचे आदले प्रधानमंत्री सर्गेस्त राजीव गांधी हांच्या फोटवाक मुख्य सचीव फुलांहार घातले आनी सचिवालयातल्या कर्मचाऱ्यांक आतंकवाद विरोधी सोपूत दितले.

डेस्क ५०

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी 25 मेक आकाशवाणीच्या मन की बात कार्यावळींतल्यान देशवासिया कडे आपले विचार मांडतले. म्हयन्याळ्या रेडिओ कार्यावळीचो हो 122 वो भाग आसतलो. लोक ह्या कार्यावळी खातीर ह्या म्हयन्याच्या 23 तारखे मेरेन आपल्यो कल्पना आनी सुचोवण्यो 1800-11-7800 नंबराचेर धाडु शकतात तशेंच नरेंद्र मोदी ॲप वा मायगॉव ओपन फोरम वरवीं आपलें विचार नोंद करू शकतात.

DIP 80

एलडीसी पदां खातीर लेखी परिक्षा 26 मे क आनी एमटीएस परिक्षा 27 मे क जातली अशी म्हायती गोंय खेळां प्राधिकरणान दिल्या.आसन क्रमांक, स्थळ, तारीख आनी वेळ अशा तपशीलां खातीर उमेदवारांक एस ए जी संकेतथळ www.tsag.org चेर मेळतली

22 मे 2025 मेरेन कॉल लेटर मेळूंक नाशिल्ल्यांक 23, 24 आनी 25 मे 2025 दिसा प्रशासन विभाग, पयलो माळो, एथलेटिक स्टेडियम, बांबोळी , एसएजी मुखेल कार्यालयांत आधार कार्ड, पॅन कार्ड, ड्रायव्हिंग लायसन्स आदी फोटो ओळख पुरावे मुखेल लिपिकाक दाखोवन घेवंक मेळतले मुखेल लिपिकचो संपर्क क्रमांक 9850450045 आसा.

NSD 85

विकसीत शेती संकल्प अभियान ही देशभरांतली मोहीम ह्या म्हयन्याच्या 29 तारखे सावन सुरू जातली आनी ती 12 जून मेरेन चालू उरतली अशे केंद्रीय कृशी

मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी सांगलें.आधुनीक तंत्रगिन्यान आनी नव्या बियाणांच्या जाती विशीं शेतकारांक जागृताय निर्माण करपाचो हे मोहिमेचो हेत आसा. आयज नवी दिल्लींत पत्रकार परिशदेंत उलयतना चौहान हांणी सांगलें, की ही मोहीम देशभरांतल्या 723 जिल्ह्यांनी चालीक लायतले आनी सुमार देड कोटी शेतकारांमेरेन ती  पावतली. शेतकारांक वेव्हारीक आनी शास्त्रीय शेती तंत्राचें प्रशिक्षण दिवपा खातीर शास्त्रज्ञांचो पंगड सुमार 65 हजार गांवांक भेट दितलो अशें तांणी सांगलें.

शाह 50

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हाणी आयज नवी दिल्लींत नव्या ओव्हरसीज सिटीजन ऑफ इंडिया पोर्टलाचें उक्तावण केलें. सद्याच्यो त्रुटी सोडोवपाक आनी वापरप्यांचो अणभव वाडोवपा खातीर हें पोर्टल सुरू केलां.

नमस्कार